Panaji National 7th April 2025 8.40am

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू पोर्तुगालचे राष्ट्रपती Marcelo Rebelo de Sousa हांच्या बरोबर शिष्टमंडळ पांवड्यार उलोवणी करतली.
- केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह जम्मू-काश्मीराच्या तीन दिसांच्या भोंवडे निमतान काल जम्मूत पावले.
- भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे चलन धोरण समिती - एमपीसीची तीन दिसांची बसका आयज मुंबयंत सुरू जाता.
- भलायकी आनी बऱ्या भलायकी पद्दती विशीं जागृताय करपा खातीर आयज संवसारभर संवसारीक भलायकी दीस मनयतात.
- आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या खेळांत गुजरात टायटन्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक सात विकेटींनी हारयलो. आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर मुंबय इंडियन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू ह्या पंगडा मदि खेळ जातलो.

Prez Portugal – 100

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू पोर्तुगाल आनी स्लोव्हाकियाच्या भोंवडेच्या पयल्या पांवड्यार आज सकाळी लिस्बन शारांत पावल्यो. राष्ट्रपती मुर्मू, पोर्तुगालचे राष्ट्रपती Marcelo Rebelo de Sousa हांच्या बरोबर शिष्टमंडळ पांवड्यार उलोवणी करतली. तशेंच त्यो प्रधानमंत्री Luis Montenegro आनी संसदेचो अध्यक्ष Jose Pedro Aguiar Branco हांचींय भेट घेतली. लिस्बनचे महापौर तिच्या सन्मानार्थ एक खासा कार्यावळ आयोजित करतले. राष्ट्रपती पोर्तुगालाटल्या भारतीय समुदायाच्या सदस्यांक मेळटली आनी वेगवेगळ्या विद्यापिठांतल्या आनी शिक्षणीक संस्थांच्या कांय भारतीय संशोधकांक ति मेळपाची शक्यताय आसा.

स्लोवाकिया चे राष्ट्रपति पीटर पेलेग्रीनी हांच्या आमंत्रणाचेर राष्ट्रपति द्रौपदी मुर्मु 9 ते 10 एप्रील मेरेन स्लोव्हाकियाक भेट दितली. 29 वर्सां उपरांत भारतीय राष्ट्रपतीची स्लोव्हाकियाक ही पयली भेट आसतली.

PM Tamil Nadu – 115

देशाच्या चारय कोनशांक जोडपा खातीर फाटल्या धा वर्सांत सरकारान देशांतली मुळावी बांदावळ घटमूट करपाचे जायते यत्न केल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तामिळनाडूत ८३०० कोटी रुपयांच्या रेल्वे आणि रस्ते प्रकल्पां खातीर बुन्याद घालून आणि पंबन व्हर्टिकल लिफ्ट सी ब्रिजचे उद्घाटन केल्या उपरांत प्रधानमंत्री रामेश्वरमात एका जाहीर सभेत उलयताले. तमिळनाडूची उदरगत राष्ट्राचे उदरगतींत योगदान दिता अशें तांणी सांगलें.
व्हर्टिकल लिफ्ट सी ब्रिजाकविसाव्या शतकातले आश्चर्य म्हणत तांणी ह्या प्रकल्पांत वांटो घेवपी अभियंत्यांक परबीं दिली. हाका लागून वेपार, पर्यटन आनी वेवसाय सोंपें जातलें आनी लोकांक रोजगार मेळटलो अशे तांणी सांगले.
फाटल्या धा वर्सांत केंद्राच्या यत्नांक लागून श्रीलंकेच्या काडयेतल्यान 3700 नुस्तेमारांची सुटका जाल्या आनी अंदु वर्सा श्रीलंकेच्या काडयेतल्यान 600 परस चड नुस्तेमारांची सुटका जाल्या अशें मोदी हांणी सांगलें.

Amit Shah Jammu – 270

जम्मू वाठारांतली आतंकवाद संबंदीत परिस्थिती बेगीन नियंत्रणांत हाडटले अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाणी  भाजपाचे आमदार आनी पक्षाच्या वरिश्ठ फुडाऱ्यांक आश्वासन दिलां. जम्मू आणि काश्मीरला राज्याचो दर्जो  दिवपा बाबत केंद्र सरकारच्या वचनबद्धतेचो तांणी  पुनरुच्चार केला.  शाह हाणी केंद्रीय मंत्री डॉ जितेंद्र सिंग हांच्या हाजिरेंत त्रिकुटा नगरांतल्या पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत भाजपाच्या सगल्या 28 आमदारां बरोबर  दोन वरांची बसका घेतली. राष्ट्रीय सरचिटणीस आनी जम्मू-काश्मीर प्रभारी तरुण चुघ, भाजपा केंद्र शासित प्रदेश मुखेल सत शर्मा, विरोधी पक्ष फुडारी सुनील शर्मा आनी खासदार जुगल किशोर शर्मा आनी गुलाम अली खटाना हेय बसकेंत हाजीर आशिल्ले.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह जम्मू-काश्मीराच्या तीन दिसांच्या भोंवडे निमतान काल जम्मूत पावले. नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा आनी राज्य मंत्री (पीएमओ), जितेंद्र सिंग हाणी जम्मू विमानतळार शाह हांका येवकार दिलो. आयज अमित शाह कठुआ जिल्ह्यांतल्या आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर बीएसएफचे 'विनय' शिम चौकीक भेट दितले आनी वाठारांतल्या एकंदर सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतले. शिमेचेर भेट दिल्या उपरांत केंद्रीय गृहमंत्री जम्मूच्या राजभवनांत शहीद पुलीसांच्या कुटुंबांक मेळटले आनी अनुकंपा तत्त्वावर निवडलेल्या काय जाणांक नियुक्तीपत्रा दितले.  ते सांजवेळा श्रीनगराक वतले आनी फाल्यां श्री अमरनाथ यात्रा खातीर दोन वेगवेगळीं सुरक्षा नियाळ बसकांची येजमानकी चलैतले. गृहमंत्री virtual उक्तावण आनी बुन्याद घालपाच्या सुवाळ्या वरवीं कोट्यवधी रुपयांचे प्रकल्प जम्मू-काश्मीरांतल्या लोकांक समर्पित करतले. शाह पयलीं श्रीनगरांतल्या राजभवनांत जावपी बसकेंत केंद्र शासित  प्रदेशांतल्या वेगवेगळ्या उदरगत कार्यावळींचो आढावो घेतले. उपरांत श्रीनगरांतल्या राजभवनांत दुसरे बसकेंत ते हाजीर रावतले आनी थंय जम्मू-कठेंतल्या सुरक्षा परिस्थितीचो नियाळ घेतले. हे बसकेंत नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा, गृह मंत्रालय, लष्कर, निमलष्करी दल, जम्मू-काश्मीर पोलिस, गुप्तचर संस्था आणि नागरी प्रशासनाचे वरिष्ठ अधिकारी हजर रावतले. आतंकवाद विरोधी कारवाय, सीमे पलतडच्यांन  घुसखोरीचे प्रयत्न आणि जम्मू-काश्मी रातल्या  एकूण सुरक्षा परिस्थिती हाजेर चर्चा जावपाची अपेक्षा आसा. सुरक्षेव्यतिरिक्त, वर्सुकी अमरनाथ यात्रे  खातीर करपाचे हेर वेवस्थेचेरूय चर्चा जातली.

RBI – 70

भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे चलन धोरण समिती - एमपीसीची तीन दिसांची बसका आयज मुंबयंत सुरू जातली. हे बसकेंत मुखेल व्याज आनी रेपो दर थारायतले. ही बसका वित्तीय वर्स 2025-26 खातीर पयली चलन धोरण बसका आसतली,जातूंत बुधवारा जाहीर जावपा आशिल्ल्या मध्यवर्ती बँकेच्या प्रमुख कर्ज दरांचो निकाल थारायतले.रिझर्व्ह बँक वर्साच्या दर दोन म्हयन्यांनी चलन धोरण समितीची बसका घेता. ह्या बसकांनी पयशांची पुरवण, चलनवाडीची परिस्थिती आनी हेर स्थूल अर्थीक निर्देशक अशा घटकांचेर आदारून व्याजदर थारायतात.

WHO – 45

भलायकी आनी बऱ्या भलायकी पद्दती विशीं जागृताय करपा खातीर आयज संवसारभर संवसारीक भलायकी दीस मनयतात. अंदूं संवसारीक भलायकी दिसाचो विशय "आरोग्यदायी सुरवात, आशेचो फुडार". आमच्या प्रतिनिधींन कळीत केल्ल्या प्रमाण देशांतली भलायकी मुळावी बांदावळ घटमूट करून लोकांक दर्जेदार भलायकी सुविधा दिवपा खातीर केंद्र सरकार खूब वावुरता.

**NAVAL COMMANDERS' CONFERENCE - 55**

नौदल कमांडर्स कॉन्फरन्स २०२५ च्या पयल्या आवृत्तीचो दुसरो टप्पो आयज सावन नवी दिल्लींत जातलो. चार दिसांच्या परिशदेंत नौदलाच्या वरिश्ठ कमांडर्स मदीं म्हत्वाच्या रणनिती, कार्यकारी आनी प्रशासकीय मुद्द्यांचेर चर्चा जातली. परिशदेचो पयलो टप्पो शेनवारा कर्नाटकांतल्या कारवार शारांत जालो. ही परिषद एक उच्चस्तरीय, द्वैवार्षिक कार्यक्रम जातूंत शीर्ष नौदल कमांडर्स मदि महत्त्वाच्या धोरणात्मक, ऑपरेशनल आणि प्रशासकीय मुद्द्यांचेर चर्चा जाता.

IMD – 125

साबार राज्यांनि आशिल्ल्या कालोराच्या लहारांच्या फाटभुयेर भारतीय हवामान खात्यानं (IMD) दिल्ली खातीर यलो अलर्ट आणि गुजरात खातीर रेड अलर्ट जारी केला. राष्ट्रीय राजधानी खातीर दोन दीस कालोराच्या ल्हारांच्या परिस्थिती खातीर आयएमडीन यलो अलर्ट जारी केला. आयज गुजरात खातीर रेड अलर्ट जारी केला, जाल्यार 8 ते 10 एप्रील मेरेन ऑरेंज अलर्ट जारी केला, सौराष्ट्र आनी कच्छ वाठारांनी सामको कालोर जातलो. पांच राज्यांतल्या 21 शारांनी 42 डिग्री सेल्सियस परस चड तापमान नोंद जालां. आयएमडीन दिल्ली, राजस्थान, मध्य प्रदेश, महाराष्ट्र, गुजरात, आनी ओडिशा ह्या राज्यातल्या 21 शारांनी आनीकूय कालोर जावपाचो अदमास उक्तायला. बिहार आणि उत्तर प्रदेश संयत हेर राज्यांनि कडक उष्णता जाणवपाची शक्यता आसा. आयज हिमाचल प्रदेशांतल्या काय वाठारांनी उष्णतेच्या ल्हारांची परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. ह्या म्हयन्याचे 10 मेरेन हरियाणा आनी चंडीगढांत अशीच परिस्थिती दिसूं येता.

ISL –25

इंडियन सुपर लीग फुटबॉलांत बेंगळुरू फुटबॉल क्लब विक्रमी चवथे खेपे फायनलींत पावला. सेमी फायनलीच्या दुसऱ्या टप्प्यात काल बेंगळुरून गोवा फुटबॉल क्लबाक 3-2 असो पराभव केलो.

IPL – 130

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं हैदराबादांत जाल्ल्या खेळांत गुजरात टायटन्सान सनरायझर्स हैदराबाडाक सात विकेटींनी हारयलो. जैताखातीर 153 धांवड्यांच्या लक्ष्याचो फ़ाटलाव करपी गुजरात टायटन्सान 16.4 ओव्हरींनी तीन विकेटी वगडावन 153 धांवड्यो केल्यो. गुजरात टायटन्सचो कर्णधार शुभमन गिलांन नाबाद ६१ धांवड्यो काढल्यो. सनरायजर्स हैदराबाद खातीर मोहम्मद शमीन दोन विकेटी जाल्यार पॅट कमिन्सान एक विकेट घेतली.
हाचे आदीं गुजरात टायटन्सान टॉस जिखून पयलीं क्षेत्ररक्षण करपाचो पर्याय घेतलो. पयली फलंदाजी करून सनरायजर्सान निर्धारित 20 ओव्हरींनी 8 विकेटीं वगडावन 152 धांवड्यो केल्यो. गुजरात टायटन्साच्या पंगडा खातीर मोहम्मद सिराजान चार विकेटी घेतल्यो जाल्यार साई किशोर आनी प्रसिध्द कृष्णा हांणी दरेकीं दोन विकेटी घेतल्यो. मोहम्मद सिराज हाका Player of the Match जाहीर केलो.
आयज मुंबयच्या वानखेडे स्टेडियमाचेर मुंबय इंडियन्स आनी रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू हया पंगडा मदि खेळ जातलो. सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली.